# नाविकांक कळोवणी

ता. 10 जुलय 2024

दोनापावलाच्या राष्ट्रीय दर्या विज्ञान संस्थेवतीन चालू जुलय म्हयन्यात न्हंयांच्या उदकाचो अभ्यास करपात येतलो. 14 आनी 25 जुलय दिसा तेरेखोल न्हंयत केरी हांगा आरोंदा पुलासकयल्या वटेनच्या वाठारात, 15 आनी 24 जुलय दिसा जुवारी न्हंयत बोरी पुलाच्या सकयले वटेनच्या न्हंय वाठारांत, 15 आनी 24 जुलय शापोरा न्हंयत कोळवाळ हांगा कोळवाळ-धारगळ पुलाच्या वयले वटेनच्या वाठारात आनी 16 आनी 23 जुलय दिसा मांडवी न्हंयत नुस्तेमारी जेटी पणजी हांगा न्हंयच्या उदकाचो अभ्यास करपात येतलो.

ते खातीर वयल्या न्हंयांतल्यान येरादारी करपी सगळ्यों बार्जी, प्रवासी लाँची, क्रुईज बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं, आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी वयल्या दिसांनी खबरदारी घेवन सवकसायेन येरादारी करची. तशेंच गस्त बोटीकडल्यान मेळपी सुचोवण्यांक पाळो दिवचो, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/251

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.